50

राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू आयज युनानी दिसा निमतान दोन दिसांच्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण करतल्यो . आयज नामनेचो युनानी वैज हकीम अजमलखान हाचो जल्मदिसा युनानी दीस म्हूण, मनयतात. ह्यानिमतान  आयुश मंत्रालया खाला युनानी मेडिसीन संशोधन केंद्रीय परिशदेन इनोव्हेशन्स इन युनानी मेडिसीन फॉर इंटिग्रेटिव्ह हेल्थ सोल्युशन्स- अ वे फॉरवर्ड ह्या विशयाचेर दोन दिसांची आंतरराष्ट्रीय परिशद घडोवन हाडल्या.

60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज नवी दिल्लींत भारत उर्जा सप्तक 2025 चें आभासी पावंडयार उक्तावण केले. देशांतली सौर उर्जा निर्मणेची तांक 32 पटींनी वाडल्या जाल्यार बिगर जीवाश्म इंधन निर्मणेची तांक तीन पटींनी वाडल्या अशें तांणी सांगलें. पॅरिस जी-20 कराराचे ध्येय साध्य करपी भारत हो पयलो देश आसा तशेंच फाटल्या दशकांत भारत पाचवी व्हड अर्थवेवस्था म्हूण उदेता अशें तांणी मुखार सांगलें.

100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज कृत्रिम बुध्दीच्या परिवर्तनकारी परिणामाचेर भर दितना नैतिक सूशासन आनी समावेशी उदरगतीच्या गरजेचेर भर दिलो . पॅरिसांत जाल्ल्या कृत्रिम बुद्धिमत्ता कृतीशिखर परिषदेत ते उलयताले. फ्रांसाचे  राष्ट्रध्यक्ष इमान्युएल मॅक्रॉन वांगडा तांणी ह्या शिखर परिषदेची जोडययेजमानकी चलयली. ह्या शिखर परिषदेची येजमानकी दिल्ल्या खातीर आनी सह-अध्यक्ष म्हूण आपोवपाखातीर प्रधानमंत्री मोदी हांणी राष्ट्राध्यक्ष मॅक्रॉन ह्यांचे उपकार मानले .  एआय व्हडा गतींत विकसीत जाता आनी जबाबदार एआय सू शासन सुनिश्चीत करपा खातीर सामुहीक जागतीक यत्न करपाचे  गरजेचेर तांणी भर दिलो. भलायकी, शिक्षण आनी शेतकी मळार क्रांती घडोवन हाडून लाखांनी लोकांच्या जिवितांत सुदारणा करपाची तांक कृत्रिम बुद्धिमत्तत आस आशे ताणी  सांगले . लोकांच्या कल्याणाखातीर एआय विकसीत करपाची भारताची वचनबद्धताय प्रधानमंत्र्याणी उक्तायली,

85

केंद्र सरकार सायबर गुन्यांवांचेर आळाबंदा हाडपाखातीर पुराय यत्न करता अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हाणी स्पश्ट केलें. नवी दिल्लींत घरमंत्रालयाच्या सायबर सुरक्षा आनी सायबर गुन्यांवाविशींच्या संसदीय सल्लागार समितीचे बसकेंत ते उलयताले. सायबर गुन्यांवांनी भौगोलिक शिमो हूपल्यात आनी ताचेर आळाबंदा हाडपा खातीर केंद्र सरकार अभिसरण, समन्वय, संवाद आनी क्षमतायचेर लक्ष केंद्रीत करता अशें तांणी सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला देशांत डिजिटल क्रांती जाता म्हण सायबर सुरक्षा घटमूट करप हें घरमंत्रालयाचें प्राधान्यआसा अशेंय तांणी सांगलें.

55

देश दुबळो आसल्यार आंतरराष्ट्रीय शांतताय आनी सुवेवस्था स्थापन जावंक शकना अशें भारत मानता अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी स्पश्ट केलें. आयज एरो इंडिया परिशदेंत संरक्षण मंत्र्यांचे बसकेंत ते उलयताले. संवसारातल्या वाडट्या संघर्शक लागून अनिश्चिततायेत आनीक वाड जाता . नव्या सत्तासंबंदांक नव्या शस्त्रांक आनी बिगर राज्यसत्तेच्या वाडट्या प्रभावाक लागून संवसारीक वेवस्था नाजूक जाल्या अशें तांणी सांगलें.

45

फाल्यां प्रयागराजांतल्या महाकुंभांत जावपी माघ पूर्णिमा न्हाणाचे फाटभूयेर तयारी पुरायपणान सुरू आसा. ह्या काळांत कल्पवासी लोक संगमच्या घाटालागीं रावतात. उत्तर प्रदेश सरकारान भक्तांक गरजेच्यो सेवा दिवपा खातीर आनी येरादारीचें प्रभावी वेवस्थापन करपाखातीर खाशेली वेवस्था केला. तशेच भारतीय रेल्वेय यात्रेकरु आनी पर्यटकांची खाशेली वेवस्था करपाखातीर झुजा पांवड्यार वावुरता. रेल्वेमंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी प्रयागराज रेल्वे स्टेशनावेल्या वेवस्थेची पळोवणी केली. महाकुंभ खातीर शारांतल्या आठ रेल्वे स्टेशनांचेर सरकारान विस्तारान वेवस्था केल्या अशे दिल्लींत पत्राकरांकडेन उलयतना ताणी सांगलें.

50

देशांतल्या उर्जा परिवर्तनात अणुऊर्जेचो म्हत्वाचो वांटो आसतलो अशें मुखेल अर्थीक सल्लागार अनंत नागेश्वर हाणी सांगलां. इंडियन वेंचर अँड ऑल्टरनेटिव्ह कॅपिटल असोसिएशनान आयज मुंबयंत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या क्षेत्रांत खाजगी कंपन्याचो सहभाग हो अर्थसंकल्पांत केल्ल्या घोशणाचो एक भाग आसा आनी गरज नाशिल्ले नेम काडून उडोवप गरजेचें आसा हाचेर ताणी भर दिलो.

25

घुवळे वखदाविशी शून्य सहिष्णुताय धोरणांचो भाग म्हणून केल्ल्या कारवायांनी 2024 वर्सा 25 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाचीं घुवळे वखदां जप्त केल्यांत अशी म्हायती केंद्रीय घर मंत्रालयान दिला.

35

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी घरमंत्री अमित शाह हांणी पंडित दीनदयाल उपाध्याय हांच्या पुण्यतिथीनिमतान ताका आर्ग ओपली . पंडित दीनदयाल उपाध्याय हे दूरदर्शी विचारवंत आशिले ताणी आपली पुराय जीण भारताचे सेवे खातीर ओंपली अशे सोशल मिडियापोस्टींvarvi प्रधानमंत्र्यानी म्हळा . भारतीय राजकारणांत अंत्योदय तत्व स्थापन करपाचें श्रेय पंडित दीनदयाल उपाध्याय हांचे आसा तांचे विचार आनी तत्व देशवासीयांक सदांच लोकांची सेवा करपाची प्रेरणा दितले अशे घरमंत्री अमित शाह हाणी सोशल मिडियावरवी सांगले.

15

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी स्टील आनी ॲल्युमिनियमाच्या आयातीचेर 25 टक्के शुल्क लावपाच्या आदेशाचेर सयो केल्यात.

40

हमासने इस्त्रायलच्या बंधकांक शेनवारा दनपारां मेरेन सोडले ना जाल्यार इझ्राएल आनी हमास हांचेमदीं जाल्ली झुजाबंदी कबलात रद्द करची अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलां. इझ्राएलान झुजाबंदी कबलातीचे उल्लंघन केल्ल्याचो आरोप करून हमासान बंधकांक सोडपाक कळाव केल्या उपरांत ट्रम्प हांणी हें विधान केलां.

25

चीनांतल्या किंगडाओ शारांत आयजसावन आशिया मिक्स टीम बॅडमिंटन वस्तादपण सर्त सुरू जाता .ह्या सर्त त  लक्ष सेन , एच.एस.प्राणॉय आनी मालविका बनसोड हे भारताचे फुडारपण करतात .

राष्ट्रीय खेळां सर्तींत आयज 6 खेळगड्यानी दादल्यांच्या 20 किमी चलपाचे सर्तींत राष्ट्रीय विक्रम मोडलो. हे सर्तींत सेनादळच्या सेविन सेबेस्टियनान भांगरा उत्तराखंडाचे सूरज पंवार हाणी रुप्या आनी पंजाबच्या अमनजोत सिंग हाणे कांस्य पदक जिखलें. तशेंच 9 बायलां खेळगड्यांनी 10 किमी चलपांचे सर्तींत आदलो राष्ट्रीय विक्रम मोडलो.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर नमस्कार